Panaji Regional 25th May 2025 7.25am

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या ‘मन की बात’ कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 122वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair

मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

------------------------------------------

Rashmi

गोंयची खाजन शेती पुर्नजिवित करपाकातीर केंद्र सरकारान मजत करची अशी मागणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शेनवारा दिल्लीत जाल्या निती आयोगाच्या बसकेत केल्या. गोंयात 10 हजार हॅक्टर जमिनीच खाजन शेती जाता. मात खारे उदक ह्या शेतानी गेल्यान ती पेड्यार जाल्यात आनी शेतकार निरशेल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानि निती आयोगाच्या बसकेत दिल्या. शेतात आशिल्ले बंद, तशेंच मानस आनी शेतातलो गाळ काडपाची गरज आसुन, ही शेती पुर्नजिवित जायत जाल्यार गोंयचो दर्यादेग घटमुट उरपाक मजत जातली. तशेचं नुस्तेमारी आनी पारंपारीक मीठ करपाच्या व्यवसायाक उर्बा मेळटले अशे म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार बसकेत दिल्या.

त्या भायर गोंयचो अर्थिक, समाजिक आनी पर्यावरणाच्या बाबतीन गोंयच्या उदरगतीची म्हायती मुखेलमंत्र्यानि ह्या बसकेत दिल्या. 2030 मेरेन 30 टक्के

इलेक्टीक वेहिकलांचो उपेग करुन  गोंयांतल्यान 50 टक्के प्रदुशण कमी करपाची मोख सरकारान दवरल्या.

विकसित भारताखातीर विकसित राज्य  ह्या  संकल्पनेचेर निती आयोगांची ही बसका जाल्ली.

------------------------------------------

भलायकी खाते अधिकारी कारवाय

भलायकी खात्यांत व्हड प्रमाणांत भ्रश्टाचाराचे प्रकरण उक्ते जाले उपरांत 6 अधिकाऱ्यांक निलंबीत करपाची प्रक्रिया सुरु आसा अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, ह्या अधिकाऱ्यां मदीं दोन भलायकी निरिक्षक आनी चार नितळसाण निरिक्षक आसात. हे कर्मचारी भ्रश्टाचार आनी ब्लॅकमेलिंग सारक्या गंभीर प्रकरणांत आसात अशी म्हायती उजवाडाक आयले उपरांत खात्यान तांचे हालचालींचेर बारीक नदर दवरली. खात्याच्या स अधिकाऱ्यां आड निलंबीत करपाची प्रक्रिया सुरू आसा आनी फुडल्या सप्तकांत ह्या अधिकाऱ्यांचीं नांवां जाहीर करतले अशें भलायकी मंत्री राणे हांणी सांगलें. खंयच्याच तरेचो भ्रश्टाचार सोंसचें नात. दोशी अधिकाऱ्यां आड खर कारवाय करतले अशें राणे हांणी सांगलें.

------------------------------------------

तिरंगा  यात्रा

भारतीय जनता पार्टीच्या आदवोगाद फाट्यावतीन काल भारतीय सैन्याची तुस्त करपी तिरंगा यात्रा  पणजेत  आझाद मैदानाचेर आयोजीत केल्ली.  ओपरेशन सिंदुरावरवी पाकीस्तानाक चोख उत्तर दिल्या फांटभुयेर जवानाचे कार्य हे तुस्त करपासारखे आसा. सैनाच्या यशाची तुस्त करपाच्या हेतान ह्या यात्रेचे आयोजन केला अशे मत ह्यावेळार भाजपा आदवोगाद फाट्याची निमंत्रक सुलक्षा शेट्ये हांणी दिल्या. सेनेन सदाच देशाक सुरक्षा दिल्या.ताका लागुन  भारतीय नागरीक सदाच देशाच्या सैनेचे उपकारी आसतले अशे शेट्ये हीणे म्हणला.

------------------------------------------

मान्सून केरळांत

शेनवारा मान्सून पुराय केरळ सयत तमिळनाडू आनी कर्नाटकाच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी दाखल जालो. हवामान अनुकूल आसल्यार फुडल्या 2 ते 3 दिसांनी मान्सून गोंयांत प्रवेश करपाची शक्यताय आसा. सादारणपणान 1 जून दिसा पावस केरळांत प्रवेश करता.अंदू आठ दीस आदीं पावसान केरळांत प्रवेश केला. ताचे आदीं 2009 वर्सा 23 मे दिसा केरळांत पावस पाविल्लो.

हवामान खात्यान हाचे पयलीं मान्सून केरळांत 27 मे दिसा पावतलो असो अदमास काडिल्लो. पूण अरबी दर्यांत तयार जाल्ल्या उण्या दाबाच्या पट्ट्याक लागून आनी बंगालच्या खाडींतल्या हवामानांत बदल जाल्ल्यान पावस ताचे पयलींच आयलो. 25 ते 28 मे ह्या काळांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या आनी ह्या चार दिसां खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केलां.

-------------------------------------------

IPL

आयपीएल. टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत दिल्ली कॅपिटल्सान पंजाब किंग्साक स विकेटींनी हारयलो. पयली फलंदाजी करतना पंजाब किंग्सान निर्धारित वीस ओव्हरींनी आठ गडे बाद 206 धांवड्यो केल्यो. 208 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी दिल्ली कॅपिटल्सान समीर रिजवीच्या अर्दशतकाच्या नेटार निमाण्या ओव्हरींत जैत मेळयलें. रिझवीक पलेयर ऑफ-द-मैच म्हूण जाहीर केलो.

आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत दनपारां 3:30 वरांचेर गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंगडा मदि खेळ जातलो. दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर सांजवेळा 07:30 वरांचेर सनरायजर्स हैदराबाद, कोलकाता नाइट रायडर्स आड खेळतले.

-------------------------------------------